**मुख्यमंत्री सरल पगार  येवजण उपक्रम**

ता. 14 ऑगस्ट  2023

गोंय  सरकारान रिफायन टॅक प्रा. लि., बंगळूर, कर्नाटक हांच्या भागीदारीन "मुख्यमंत्री सरल पगार येवजण" उपक्रम सुरू केला. "मुख्यमंत्री सरल पगार येवजण" उपक्रमा खातीर  गोंय सरकारान रिफायन टॅक प्रा. लि. वांगडा  सहकार्य कबलात केल्या.

गोंय सरकाराच्या कर्मचाऱ्यांखातीर अनपेक्षीत आर्थिक भार कमी करप आनी आर्थिक स्थिरता सुदारप हो ह्या उपक्रमाचो उद्देश आसा.

मुख्यमंत्री सरल पगार येवजण उपक्रमाखाला कर्मचारी म्हयन्याच्या निमाण्या तारखेची  वाट पळयत रावनासतना खंयच्याय दिसा, केन्नाय आपल्या  पगारातल्यान रक्कम  सोयीस्करपणान काडपाक  शकता. ह्या उपक्रमाचो लाव घेवपाखातीर कर्मचारी Google Play  Store वा App  Store वयल्यान Refyne ॲप  डाउनलोड  करपाक  शकता.  पेपरलेस KYC पूर्ण केल्या उपरांत कर्मचारी तत्काळ ताचो पगार काडपाक  शकता.

ह्या येवजणेत सामील जावचे पयली सगळ्यां  सरकारी कर्मचाऱ्यांनी पेमेंट अटी, शुल्क आनी हेर सगळ्यों अटी आनी शर्ती काळजीपूर्वक वाचून घेवच्यो. जांकां गरजेच्या कारणांक लागून आगाऊ पगार घेवपाचो आसा, तांच्या खातीर  ही पुराय ऐच्छिक येवजण आसा. ह्या येवजणे खातीर सरकाराचे कसलेच प्रोत्साहन वा सबसिडी ना. ही एक येवजण आसा आनी ती पुराय तरेन वेवसायिक अटींचेर Refyne वतीन चलोवपात येता.

मुख्यमंत्री सरल पगार येवजणेचो लाव घेवपा खातीर कर्मचारी QR कोड स्कॅन करून Refyne ॲप डाउनलोड करपाक शकतात.

कसलीय  शंका आसल्यार  वा मदती खातीर goa.gov@refyne.co.in चेर ईमेल करचो वा 9513686005 ह्या कस्टमर केअर नंबराचेर कॉल करचो .

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/633

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.